17th Sept 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीतल्या यशोभूमी हांगा, सेमिकॉन इंडिया २०२६चे उक्तावण करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या वाडदिसा निमतांन, भारतीय जनता पार्टी म्हयनोभर चलपी, राष्ट्रव्यापी 'सेवा संकल्प अभियाना'ची सुरुवात जातली.
- भारतान तथाकथित 'पाकिस्तान-चीन सीमा संयुक्त आयोग' भायरायला. बेकायदेशीरपणान ताब्यात घेतिल्ल्या भारतीय वाठारात हस्तक्षेप करपाचो, पाकिस्तानाक कायदेशीर अधिकार ना, अशे भारतान म्हळां.
- अमेरिकेच्या फेडरल रिझर्वान 2023 उपरांत, पयलेच खेपे आपलो व्याजदर वाडयला.
- क्रिकेटात अफगाणिस्तान आडच्या, तीन खेळांच्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय माळेतलो निमणो खेळ, भारत आज सांजे, दिल्लीत खेळतलो.

PM सेमिकॉन -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी, नवी दिल्लीतल्या 'यशोभूमी' हांगा सेमिकॉन इंडिया २०२६चे उक्तावण करतले. आजसावन सुरू जावपी ही तीन दिसांची परिषद आणि प्रदर्शन 'सिलि-कॉन टू सिस्टिम्स: बिल्डिंग द इको-सिस्टम' या संकल्पनेर आधारित आसा. हातुंत सेमिकंडक्टर आणि इलेक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रातल्या मूल्य साखळीकडे संबंधित जागतिक आनी भारतीय कंपनी, धोरणकर्ते, गुंतवणूकदार, संशोधक, स्टार्ट-अप्स, शैक्षणिक संस्था आणि विद्यार्थी एकठाय येतले.

PM Birthday -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो वाढदिस आणि तांची २५ वर्षांची जनसेवा मनोवपाक आज गुजरातात, तांचे जन्मगाव - वडनगर हांगा, म्हयनोभर चलपी 'सेवा संकल्प अभियाना'ची सुरुवात जातली. या उपक्रमाचो एक भाग म्हणून, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आणि गुजरातचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल 'वडनगर ते वाराणसी' बाईक रॅलीक पाचवा बावटो दाखयतले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांचो संसदीय मतदारसंघ वाराणसीतय, वाढदिवसानिमतान, खुपशा भव्य कार्यक्रमांचे आयोजन केला.

India Pak -

भारतान तथाकथित 'पाकिस्तान-चीन सीमा संयुक्त आयोग' भायरायला. भारताचे म्हणणे आसा की, पाकिस्तानच्या बेकायदेशीर आणि बळजबरीच्या ताब्यातल्या भारतीय भूभागाविशी, कसलीच व्यवस्था वा कबलात करपाचो पाकिस्तानाक, कसलोच कायदेशीर अधिकार ना. प्रसारमाध्यमांच्या प्रश्नांना उत्तर दितना, परराष्ट्र व्यवहार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी म्हणाले की, मंत्रालयान यासंदर्भातल्यो खबरो पळयल्यात आणि या विषयार भारताची भूमिका स्पष्ट आसा.

पाकिस्तान आणि चीन मदी कसलीच सामायिक शिम ना. नवी दिल्ली 'पाकिस्तान-चीन शिम संयुक्त आयोग' नाकारता कारण, ताका कसलोच कायदेशीर आधार ना. परराष्ट्र व्यवहार मंत्रालयाच्या प्रवक्त्यांनी परत एकदा ठामपणान सांगले की, जम्मू-काश्मीर आणि लडाख हे पुराय केंद्रशासित प्रदेश, भारताचे अविभाज्य आणि अतूट भाग आशिल्ले, आसात आणि उरतले.

अमेरिका फेडरल रिझर्व-

सेगीतच्या महागाईचेर नियंत्रण मेळोवपाच्या हेतान, अमेरिकेच्या फेडरल रिझर्वान 2023 उपरांत, पयलेच खेपे आपलो व्याजदर वाडयला. अंदूंच्या वर्साच्या निमाणे कडेन, आनीक दर वाड जावंक शकता, असोय संकेत केंद्रीय बँकेन दिला क्वार्टर पॉयंट वाडीक लागून, फेडाचो मुखेल दर सुमार 3 पूज्य 9 टक्क्यांनी वाडटा. हाचो परिणाम म्हणून फुडाराक घर रिण, वाहन रिण आणि क्रेडिट कार्डवेले रिण वाढू येता. त्रैमासिक अदमासाच्या संचांत, फेडानय संकेत दिला की ताची दर थारावपी समिती दुसरे खेपे दर वाडोवन, 4 पूज्य 1 टक्क्यां मेरेन पावयतली.

Chittah -

भारतातल्या चित्त्यांची संख्या, ५२चेर पावल्या. हातुंत देशात जन्मल्या ३२ चित्त्यांचो आसपाव आसुन, सध्या ४९ चित्ते, कुनो राष्ट्रीय उद्यानात आणि तीन चित्ते गांधी सागर अभयारण्यात आसात. चित्ता पुनर्वसन कार्यक्रमाच्या चार वर्षांच्या आढाव्यात, ही माहिती दिल्या. कुनो राष्ट्रीय उद्यानान, प्रसिद्ध केल्या 'भारतातले चित्ते: चार वर्षांचो आढावो' या अहवालाप्रमाण, सध्याच्या संख्येत नामिबिया आणि दक्षिण आफ्रिकेतल्यान हाडिल्ले आनी जिवे उरीले, चित्ते आणि तांची पिला, तसेच बोत्सवाना हांगच्यान नव्यान हाडील्या चित्त्यांचो आसपाव आसा. १८ फेब्रुवारी २०२३क हाडील्या, दक्षिण आफ्रिकेतल्यानं हाडिल्ले १२ चित्त्यांपैकी, आठ चित्ते आणि तांची भारतात जन्मली १० पिला, जिती आसात. हाका लागुन दक्षिण आफ्रिकेतले मूळ चित्ते १८ जाल्यात.

Dadasaheb Phalke Award -

ज्येष्ठ अभिनेता अनंत नाग हांका, भारतीय चित्रपटसृष्टीतले योगदान आणि प्रेरणा दिवपी तांचो गौरवशाली चित्रपट प्रवास, हे खातीर प्रतिष्ठित 'दादासाहेब फाळके पुरस्कार २०२४' दिऊन सन्मानित करतले. माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान ही घोषणा केली. हो पुरस्कार या महिन्याच्या २२ तारखेक गुजरातच्या केवडियात, जावपी ७२व्या राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार सुवाळ्यात प्रदान करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी, दादासाहेब फाळके पुरस्कार जाहीर झाल्याबद्दल तांका परबी दिली. सोशल मीडियावेल्या एका पोस्टात ताणी म्हळा, की नाग हांच्या अभिनयान, अनेक दशकां सावन भारतीय चित्रपटसृष्टीर खोल प्रभाव घाला. केंद्रीय माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी लेगीत या यशाबद्दल, नाग हांचे अभिनंदन केले.

Sagarmala -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भौशिक सेवेतली २५ वर्सां पूराय करतात. हो प्रवास 'जन सेवेतल्यान देश सेवा' या मंत्रान आणि आजय कायम आशिल्या अथक कटीबद्धतेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ पर्यंत 'विकसित भारत'चे उद्दिष्ट साध्य करपाक अविरत प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आयज, 'सेवा संकल्प अभियान' या विशेष मालिकेंत Sagarmala प्रकल्पावरवी, हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो याचे एक उदाहरण आमी मांडतली. ८४५ परस चड प्रकल्प ६ लाख कोटी रुपया परस अधिक गुंतवणूक करून, २०१५त सुरू केल्यात. 'सागरमाला' उपक्रमाचो उद्देश बंदरांक उत्पादन केंद्र, बाजारपेठ आणि लोकांकडे जोडून भारताच्या दर्यादेग विकासाचे इंजिन करप आशिल्लो. या उपक्रमाच्या पाच-स्तंभीय दृष्टिकोनामदी बंदरांचे आधुनिकीकरण, अखंड रस्ते आणि रेल्वे संपर्क, बंदरांचेर आधारित औद्योगिकीकरण, दर्यादेग समुदायांचो विकास आणि दर्यादेग उदका येरादारी आनी अंतर्गत जलमार्गांचो अधिक वापर आसपावता.

CR Patil Cleanliness -

केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी. आर. पाटील हांणी, जलशक्ती राज्यमंत्री व्ही. सोमण्णा आणि गृहनिर्माण आनी शारी व्यवहार राज्यमंत्री तोखान साहू हांचे वांगडा 'स्वच्छता ही सेवा' मोहीम २०२६ चो शुभारंभ केलो. 'स्वच्छतेत सहभाग; स्वच्छ भारत, विकसित भारत' ही, या मोहिमेची संकल्पना आसा. काल सांजे आयोजित पत्रकार परिषदेत प्रसारमाध्यमांकडे उलयताना मंत्री पाटील हांणी सांगले की, या वरसाची 'स्वच्छता ही सेवा' मोहीम पाच मुख्य स्तंभांर केंद्रित आसा. जागतिक पर्यटन दिसानिमतान, पर्यटकांची व्हड गर्दी आशिल्यो सुवातो आणि पर्यटकांच्या पसंतीच्यो दर्यादेगासयत, वेगवेगळ्या पर्यटन स्थळांच्या स्वच्छतेचेर, विशेष लक्ष दितले, अशेय मंत्र्यांनी सांगले. तशेच, १ ऑक्टोबराक देशभरात एकाच वेळार स्वयंस्फूर्तीन श्रमदान आणि स्वच्छता मोहिमांचे आयोजन करतले.

EPFO -

केंद्रीय मंत्रिमंडळान कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटना म्हळ्यार, EPFO च्या सक्तीच्या कवरेजाखातीर, मासिक वेतन मर्यादा १५ हजार रुपयां वयल्यान, २५ हजार रुपया केल्या, अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले.

Sports Cricket -

दादल्यांच्या क्रिकेटात यजमान अफगाणिस्तान आडच्या, तीन खेळांच्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय मालिकेतलो निमणो खेळ, भारत आज सांजे दिल्लीत, अरुण जेटली स्टेडियमार खेळतलो. खेळ भारतीय वेळे प्रमाण, सांजे 7.30 वराचेर सुरू जातलो. भारतान पयल्या दोन खेळात, बेसबरो विजय मेळयला.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, केरळ, माहे, तमिळनाडू आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. जम्मू-काश्मीर, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तराखंड, झारखंड, छत्तीसगढ़, राजस्थान आनी गुजरात ह्या वाठारांनी वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाची शक्यताय आसा. गोंयांत लेगीत फुडल्या ३ ते ४ वरात काय वाठारांनी पावस पडपाची शक्यताय गोंय वेधशाळेन उक्तायल्या.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीतल्या यशोभूमी हांगा, सेमिकॉन इंडिया २०२६चे उक्तावण करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या वाडदिसा निमतांन, भारतीय जनता पार्टी म्हयनोभर चलपी, राष्ट्रव्यापी 'सेवा संकल्प अभियाना'ची सुरुवात जातली.
- भारतान तथाकथित 'पाकिस्तान-चीन सीमा संयुक्त आयोग' भायरायला. बेकायदेशीरपणान ताब्यात घेतिल्ल्या भारतीय वाठारात हस्तक्षेप करपाचो, पाकिस्तानाक कायदेशीर अधिकार ना, अशे भारतान म्हळां.
- अमेरिकेच्या फेडरल रिझर्वान 2023 उपरांत, पयलेच खेपे आपलो व्याजदर वाडयला.
- क्रिकेटात अफगाणिस्तान आडच्या, तीन खेळांच्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय माळेतलो निमणो खेळ, भारत आज सांजे, दिल्लीत खेळतलो.